**Panaji regional news**

**22.06.2025,,, 7.20pm**

**मंत्री शिरोडकार**

गोंयांत पर्यावरणाच्या रक्षणाच्या नदरेंतल्यान म्हत्वाची पावलां उखलप गरजेचें आसा.सरकाराच्या वेगवेगळ्या येवजण्यांचो राव घेवन गोंयांत हरीतक्रांती घडोवपाक तरणाट्यानी मुखार येंवचे अशें आवाहन जलस्रोत मंत्री सुभाष शिरोडकार हाणी केलां.तुयें पेडणे वाठारांत जलस्रोत खात्यावतीन रोपां वांटपाची कार्यावळ जाली.ते वेळार मंत्री शिरोडकार उलयताले.कार्यावळीक मांद्रेचे आमदार जीत आरोलकार,तुयेंचे सरपंच किरण साळगांवकार, जलस्रोत खात्याचे मुखेल अभियंते डी.वाय.सालेलकार तशेंच विभागीय कृषी अधिकारी रणजीत म्हापसेकार हाजीर आशिल्ले.सुमार दोन लाख चौकण मीटर पडीख आशिल्ल्या जमनींत शेती करची आनी चडांत चड तरणाट्यानी कृषी वाठारांकडेन वळचें म्हण सरकार नव्यो नव्यो शेती संबंदी येवजण्यो तयार करतात अशें मंत्री शिरोडकार हाणी मुखार उलयतना सांगलें.तरणाट्या शेतकारांनी कृषी वाठारांत येवन सरकारी येवजण्यांचो लाव घेवचो अशें आमदार जीत आरोलकार हाणी सांगलां.शेतकारांक आपणाक कडसून सगळे तरेची मजत मेळटली अशेंय ताणी आपल्या उलोवपांतल्यान उतर दिलें.कृषी अधिकारी रणजीत म्हापसेकार हाणी हेवेळार कृषी येवजण्यांची म्हायती दिली.

## घोडे सांस्कृतीक

मडगांव च्या श्री दामुबाबाले घोडे सांस्कृतीक मंडळ आनी गोवा लायवलीहूड फोरम हांच्या जोड पालवान आयज मडगांवच्या रवींद्र भवनांत शालेय विध्यार्थ्यांखातीर सायकलिच्या वितरणाची कार्यावळ जाली.कार्यावळिक गोंय भाजपा चे अध्यक्ष दामू नायक, मडगांव चे आमदार दिगंबर कामत,नावेली मतदार संघाचे आमदार उल्हास तुंयेकार,फोरमाच्यो संस्थापक आशा वेर्णेकार,फातोड्डे भाजी मंडळाच्यो अध्यक्ष श्वेता लोटलीकार आनी रवीन्द्र भवनाचे अध्यक्ष राजेंद्र तालक आदी मानेस्त हाजीर आशिल्ले.हे वेळार गोंयच्या साबार वाठारांतल्या सुमार ५० शालेय विध्यार्थ्यांक सायकली भेटयल्यो.कार्यावळींत आदार दिगंबर कामत, उल्हास तुयेंकार,आशा वेर्णेकार, आनी श्वेता लोटलीकार हांची उलोवपां जालीं.

## राष्ट्रीय तपास एजन्सी

पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या प्रकरणांत एक सुदारणा करून राष्ट्रीय तपास एजन्सी (एनआयए) हांणी हल्लो करपी आतंकवाद्यांक आलाशिरो दिल्ल्याचो आरोप करून दोन जाणांक अटक केल्या. बटकोटेचो परवैज अहमद जोथार आनी पहलगामच्या हिल पार्कांतलो बशीर अहमद जोथार ह्या दोगांयनी हल्ल्यांत वांटो घेवपी तीन सशस्त्र आतंकवाद्यांची वळख उक्तायल्या अशें एनआयएन निवेदनांत म्हणलां.

आरोपींनी आपूण बंदी घाल्ल्या आतंकवादी संघटने लश्कर-ए-तैबा कडेन संबंदीत आशिल्ले पाकिस्तानी नागरिक आशिल्ल्याचीय पुष्टी केल्या अशें एजन्सींतल्यान सांगलां. एनआयएच्या म्हणण्या प्रमाण परवाज आनी बशीर हांणी हल्ल्या पयलीं हिल पार्कांतल्या हंगामी झोपडपट्टींत जाणूनबुजून ह्या तिगांय सशस्त्र आतंकवाद्यांक आलाशिरो दिल्लो. अटक केल्ल्या मनशांनी आतंकवाद्यांक जेवण, आलाशिरो आनी रसद आदार दिल्ल्याचें सांगलां. एनआयएन बेकायदेशीर कार्यावळी (आडाव) कायद्या खाला ह्या जोडयेक अटक केल्या.

**गृहमंत्री**

सुसंस्कृत समाजांत हिंसाचार आनी तांबड्या आतंकवादाक सुवात ना अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहान सांगलां. सरकारान नक्सलवाद मुळासकट काडून उडोवपाचो संकल्प केला आनी तें बेगीन पुराय करतले अशें तांणी सांगलें. नवा रायपूरच्या गांव बंजरी हांगा राष्ट्रीय न्यायालयीन विज्ञान विद्यापीठ आनी केंद्रीय न्यायालयीन विज्ञान प्रयोगशाळेच्यो इमारती बांदपा खातीर बुन्याद घाल्या उपरांत एका कार्यावळींत ते उलयताले. सुमार 40 एकर वाठारांत ह्यो दोनूय राष्ट्रीय संस्था बांदतले.

श्री शाह आयज छत्तीसगढ आनी शेजारच्या राज्यांच्या पुलीस महासंचालक आनी अतिरिक्त पुलीस महासंचालक हांचे कडेन नया रायपूरांत सुरक्षा संबंदीत प्रस्नांचेर बसका घेतले. दुसरे बसकेंत केंद्रीय

गृहमंत्री डावपेचवादी अतिरेकी विशीं सुरक्षेचोय नियाळ घेतले. फाल्यां केंद्रीय गृहमंत्री बस्तार विभागांतल्या नारायणपूर जिल्ह्यांतल्या अबूझमाद वाठाराक भेट दितले आनी थंयच्या गांवकारां कडेन संवाद सादतले. हाचे भायर केंद्रीय गृहमंत्री नारायणपूर जिल्ह्यांतल्या इर्कभट्टी वाठारांत आशिल्ल्या शिमेचेर सुरक्षा दळाच्या शिबिराकय भेट दितले आनी जवानां कडेन संवाद सादतले.

**धर्माधिकारी**

भारताची देशी संरक्षण तांक संवसाराक दाखोवपाक ऑपरेशन सिंदूर येशस्वी जालें अशें निवृत्त आयएएस अधिकारी आनी नामनेचे वक्ते अविनाश धर्माधिकारी हांणी सांगलें. चतुरंग प्रतिष्ठान गोवा हांणी आयोजीत केल्ल्या श्रावणानंद कार्यावळींत फोंडेंच्या गोवा विद्याप्रसारक मंडळ उच्च माध्यमिक सभाघरांत ते उलयताले. ऑपरेशन सिंदूर उपरांत राश्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय समीकरणां बदलत आसात आनी अमेरिके सयत जायते देश भारताक संवसारांतली एक मुखेल शक्त म्हणून उबो रावपाक आडावपाक मुखार सरल्यात अशें तांणी सांगलें. भारतीय संस्कृताय आनी परंपरा व्हड आसा. वसुधैव कुतुंबकम हो मंत्र संवसाराक दिल्लो देश सक्षम जालो जाल्यारूच संवसाराक शांती मेळटली अशेंय तांणी सांगलें. कार्यावळीचे सुरवेक गोंय विद्याप्रसारक मंडळाचे कार्यकारी समितीचे अध्यक्ष कृष्णा शेटये हांणी तांकां येवकार दिलो. पहलगाम आनी देशांतल्या हेर सुवातींनी मरण आयिल्ल्या नागरिकांक श्रद्धांजली दिवन कार्यावळीची सुरवात जाली. पुराय कार्यावळीचे श्रीकृष्ण देसाय हांणी संचालन केलें. आता श्रवणानंद

कार्यावळीच्या दुसऱ्या भागांत फोंड्या श्री अविनाश धर्माधिकारी हांचे 'स्पर्धात्मक परिक्षा' ह्या विशयाचेर व्याख्यान चालू आसा.

**कोंकणीं अकादमी**

गोवा कोंकणीं अकादमी आनी दिवचलेच्या कोंकणी सेवा केंद्राच्या जोड पालवान कोंकणीचे म्हापुरूस शणै गोंयबाब हांचे १४८व्ये जयंती निमतान १३ वो शणै गोंयबाब जयंती उत्सव फाल्यां सोमारा २३ जून दिसा सकाळीं ९.३० वरांचेर दिवचले जातलो.ह्या उत्सवाची कार्यावळ हिराबाई झांट्ये यादस्तीक सभाघरांत जातली.ही कार्यावळ लायन्स क्लब ओफ बिचोलीम हांच्या जोड पालवान जातली.

कार्यावळी च्या उक्तावण सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हण मुखेल मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाजीर रावतले.मानाचे सोयरे म्हण डो.चंद्रकांत शेट्ये जाल्यार दिल्लिच्या साहित्य अकादमी चे निमंत्रक कवी मेलवीन रोड्रिगीश हाजीर रावतले . ह्या कार्यावळीक दिवचें नगराध्यक्ष विजय कुमार नाटेकार,गोंय कोंकणी अकादेमीचे अध्यक्ष डो.पुर्णान्‌द च्यारी,प्रशांत चणेकार,पराग नगर्सेकार,तशेंच रुपेश ठाणेकार हें खाशेले सोयरे म्हण हाजीर रावतले.सकाळच्या सुत्रांत कार्यावळीचे उक्तावण जालें उपरांत पयल्या सत्रांत सुदत्त मांद्रेकार,मुकेश थळी,विनायक गोवेंकार ह्या मानेस्तांचो भोवमान जातलो.उपरांत परीसंवाद,प्रश्नमंजुशा सर्त, आनी कविता वाचन सर्त जातली.दनपारच्या सुत्रांत कोंकणी रेकोर्ड ग्रुप डांस सर्त,जातली.सांजेच्या ३.३० वरांचेर समारोपाचो सुवातो जातलो.मुखेल सोयरे म्हण दो.शेखर साळकार तशेंच मानांचे सोयरे

म्हण भांगरभुंयचे संपादपी महेश दिवेकार हाजीर रावतले .हें वेळार गोंय शालांत मंडळाच्या परीक्षेंत दिवचें म्हालांतल्या विध्यालयांनी कोंकणी विशयांत पयले आयिल्ल्या धावेच्या आनी बारावेच्या विद्यार्थ्यांनी ओ भोवमान जातलो.

**हवामान**

सध्या गोंयांतलो मोंसून दुबळो पडला तरीय मोन्सूनपुर्व आनी मोन्सून पावसान उटंगाराची हजेरी लायल्या.हाका लागून पावसाची वाटचाल ५० ईंचांमेरेन पावल्या.गोंयांत १ मे ते २१ जून ह्या काळांत सरासरी ४७.६० इंच पावसाची नोंद जाल्या.गोंयांत पावसाचें प्रमाण उणें जाल्ल्यान चडांत चड आनी उण्यांत उणे तापमानांत वाड जाल्या.हवामान खात्यान गोंयांत २२ ते २७ जून मेरेन मध्यम स्वरूपाच्या पावसाची शक्यताय उक्तायल्या.ह्या स दिसांखातीर राज्यांत पावसाचो यलो एलर्ट जारी केला.आयज हवामान खात्यान नोंद केलां ते प्रमाण पणजेंत चडांत चड तापमान ३२.४ अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान २५.५अंश सेल्सियस इतलें नोंद जालां.मुरगांवांत चडांत चड तापमान ३१.३ अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान २६.२ अंश सेल्सियस इतलें नोंद जालां.फुडल्या स दिसांत राज्यांत  ३२ तें २६अंश सेल्सियस मजगतीं  तापमान उरलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.